वि . वि . म

रामकृष्ण महादेव साळगावकर उच्च माध्यमिक विदयालय

कोंब मडगांव गोंय

दुसरी सत्र परिक्षा मार्च २०२४

विशयः कोंकणी

यत्ताःअकरावी
तारीखः २२.०३.२०२४

वेळः ३ वरां
गूणः ८०

---

सुचवण्योः

१.दरेका प्रस्नाची जाप नव्यां पानार सुरु करची .

२. प्रस्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.

३. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात .

४. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गूण धरचे.

५. प्रस्न क्रमांक ६,७,८,९,१०,११,१५ आनी२७ हया प्रस्नांक अंतर्गत पर्याय आसात.

---

## विभाग 'अ' (गद्य आनी पद्य)

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो एका वाक्यांत बरयात .

प्र.१. ड्रायव्हराच्या मतान शिक्षण मनशांक कितें शिकयता ? (१)

प्र.२. सुटकेझुजारी आयजूय जाण्टेपणांत कसलो सामाजिक वावर करतात? (१)

सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातिनी कंवसांत दिल्ले योग्य पर्याय वापरून कवितेच्यो वळी पुराय करात.

प्र .३. दर्याचे..... भोगचे आसा (२)

जावन म्हाका.....

(दुख, ल्हार, धार, सुख)

प्र.४. संगितातलो...... (२)

म्हणल्यार.......

(पीठ, प्राण, मीठ, जीव)

प्र.५. सकयल दिल्ल्यो जोडयो जुळोवन परत्यून बरयात :

| क | ख | |
|---|---|---|
| अ. महाबळेश्वर | श्री. रवींद्र केळेकार | (१) |
| आ. राजा राम मोहनरॉय | हर्षा शेटये | (१) |
| इ. रमेश | सतीप्रथे आड बंड | (१) |
| | मॉर्डन डी.एड कॉलेजीचो ट्रेनी टिचर | |

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो पाच ते स वाक्यांनी बरयातः (३)

प्र.६. रानां वनांत वचून कवी कितें करपाक सोदता ?

वा

आमी नमक हराम अशें कोणाक म्हणटा?

प्र.७. कोंकणी मांयभूंयेची ओड कवीन 'गोंयची ओड' कवितेंतल्यान कशी उक्तायला ? (३)

वा

कवी गांव सोडून गेल्या भावाक परत येवन माया म्हयन्यांत कसले अणभव घेवपाक सांगता?

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो स ते सात वाक्यांनी बरयातः

प्र.८ रमेशान थापड मारल्या उपरांत प्राचार्यान शांतपणान कितें जाप दिली ? (४)

वा

पोपाय माडयेकडेन कित्याक भीक मागूंक लागली?

९. महाबळेश्वराक लेखिका बाजारांत भोवपाक गेल्ले कडेन कितें पळयता? (४)

वा

पुरूशप्रधान समाजांत बायलांच्या वाटयांक कितें येतालें?

सकयल दिल्ल्या खयच्याय एका पद्यांशाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. (४)

१०. खैदीवरी म्हाका धरा
बंदखणींत फिछार करा
भूक पोटाक पोकोरन खातां
गोयचें नुस्तें चाखूक सोडा

वा

सत्रेविणे शिरवणांतले
पावसा दडकेन भिजून पळय
पावसा शिदेव तोणार घेयत
पोरणे बाजयेर न्हिदून पळय.

सकयल दिल्ल्या विधानाचें संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. (५)

११. " तुजें लग्न राजा महाबळेश्वराकडेन थारला हें म्हाका खबर आशिल्लें."

वा

"माझी लागना ती लागना पोपाय तरी लागल्यार पुरो."

## विभाग 'ब' (व्याकरण)

सकयल दिल्ली वाक्यां कंवसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलून बरयात.

१२. ते पळोवन रोपयेक बरे दिसले. ( न्हयकारी करात) (१)

१३. आनी सायड मारली म्हुण त्या(ड्रायव्हर) वायट दिसचें ना.
(कंसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात) (१)

१४. दुसऱ्या दिसा सकाळी भुरग्यांक घेवन एम्युजमेंण्ट पार्कांत गेली. ( आज्ञार्थी करात) (१)

१५. खीणभर रमेशाच्या दोळ्यांमुखार जोगल्लावल्ले भशेन जाले.(वर्तमानकाळांत करात) (१)

वा

तुमी कितेंय तरी संदेश दियात. ( प्रस्नार्थी करात )

सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाकप्रचाराचो वापर करून विधानां परतून बरयात.

१६. नवी हाडिल्ली सायकल मोडली ती पळोवन बापायक विशालाचो <u>राग आयलो</u> . (१)

१७. अपघातांत जखमी जाल्ले पल्लवी <u>दुखीन वळवळटाले</u>. (१)

( तडफडप, दोळे भरून येवप, तिडक येवप , जिवाक गोळ लागप )

सकयल दिल्ल्या उतरांची उरफाटया अर्थाची उतरां बरयात.

१८. देवती (१)

१९. लथ (१)

सकयल दिल्ल्या उतरांची विशेशणां करात.

२०. हट्ट (१)

२१. रूच (१)

सकयल दिल्ल्या उतरांची भावनामां करात.

२२. मेकळो (१)

२३. भावना (१)

२४. खोल (१)

सकयल दिल्ल्या ओपारींचो अर्थ बरयात.

२५. माजराचो खेळ हुंदराचें मरण. (१)

२६. हातार साकर मानेर कातर. (१)

२७. मानल्यार देव नाजाल्यार फातर. (१)

वा

आयज म्हाका फाल्यां तुका

सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचे फावो तें रुप रित्या सुवातीनी घालून ओळी पुराय करुन बरयात. (४)

प्र.२८. बायल ही संस्कृताय मुखार .......म्हण समाज तिचे कडल्यान अपेक्षा....... स्वताचे इत्से प्रमाण तिणें वागचें म्हूण तिचेर बंदनां ...... पूण समाजाचो दर एक घटक हो बरो विचार,मुखार व्हरपी ....... ( आसप, व्हरप, वचप, घालप, थरप ).

प्र.२९. 'वेवसायिक शिक्षणाचे म्हत्व' हया विशयाचेर तुमी तुमच्या इश्ट /इश्टिणी वांगडा केल्लो संवाद सुमार १० ते १२ वाक्यानी बरयात. (५)

प्र.३०. तुमच्या नवदुर्गा उच्च माध्यमिक विद्यालयांत आयोजित केल्ल्या 'पुस्तक प्रदर्शन' हे कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका / आपवणे तयार करात. (५)

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात.

कांय वर्सा आदीं रेल्वेच्या प्रवासांत आसतना डब्यांत एक मनीस मेळिल्लो. ताचेकडल्यान एक पुस्तक वाचूंक घेतलें.वाचतां वाचतां हांव त्या पुस्तकांत रमून गेलों. थोडया वेळान तागेलें स्टेशन आयलें. पुस्तक घेवन तो गेलो. म्हजे मन उदास जालें. वाचिल्ल्या पुर्वाधाची याद काडीत उत्तरार्ध कसो आसत काय हाचो हांव विचार करीत बसलों. हावें खूबकडेन तें पुस्तक सोदलें, पूण मेळ्ळें ना. आज त्या पुस्तकाचें नांव लेगीत म्हाका याद जायना.उत्तरार्ध आसलेबगर पुर्वार्ध कितलोय गोड आसलो तरी अर्दकुटोच उरता.मनशाचें जीणेचेंय अशेंच आसता.जिणेचो उत्तरार्ध कसो आसत हें आमका निखालूच खबर नासता. तो बरे तरेन वचचो म्हूण प्रत्येक जाण धडपडटा.देव,धाडी,दोतोर, ज्योतिषी हांचे फाटल्यान नाचता.

प्रस्नः

३१. बरोवप्याचे मन उदास कित्याक जालें? (१)
३२. कसलेंय कशेंचो उत्तरार्ध कित्याक आसूंक जाय? (१)
३३. 'गुल्ल जावप' हया वाक्प्रचाराक उताऱ्यांत दुसरो खंयचो अर्थ दिला? (१)
३४. उत्तरार्ध बरो वचचो म्हूण मनीस कितें करता? (१)
३५. उताऱ्याक फावो सारको माथाळो दियात . (१)

३६. सकयल दिल्ली जायरात वाचून रिया/रमेश रायकर, घर न.१०२ , नायकवाडो , कळंगूट, गोंय साकून सकयल दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून अर्ज बरयात. (५)

| गरज आसा |
|---|
| बँक मॅनेजर<br>शिक्षणीक पात्रतायः बी.कॉम<br>संगणकाचो दाखलो आसप गरजेचो<br>कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें<br>अणभव : उण्यांत उणी दोन वर्सां<br>पुराय म्हायती सयत अर्ज करात<br>संपर्कःमख्य अधिकारी<br>सारस्वत बँक<br>म्हापशें, गोंय. |

प्र.३७.सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार २५० उतरांनी निबंद बरयात. (८)

अ. मोडक्या घराची आपजीण

आ. राश्ट्र उबारणेंत तरनाटयांचो वांटो

इ. हांवें पळयल्ली जात्रा

ई. परिक्षाच नाशिल्ल्यो जाल्यार

******************